27th July 2025 आकाशवाणी पणजी सकाळी – 8.40

राष्ट्रीय खबरो

<u>मुखेल खबरो</u>

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूचे गंगाई-कोंडा चोल-पुरम देवळांत म्हान चोल सम्राट, राजेंद्र चोल पयलो हांच्या जयंती उत्सवांत, वांटो घेतले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं, 11 वरांचेर आकाशवाणीवेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 75 टक्के मान्यताय मेळोवन, संवसारांतले सगळयांत लोकप्रिय लोकशाय फुडारी म्हणून उदेल्या.

- हवामान खात्यान अस्तंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान आनी गुजरातांत आयज, मुसळधार पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला.

- फिडे बायलांच्या बुध्दिबळ विश्वचषकाच्या फायनलींत, कोनेरु हम्पी आनी दिव्या देशमुख हांचे मदली पयली मॅच, बरोबरीचेर सोंपली.

<u>PM RAJENDRA CHOLA</u>

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज तमिळनाडूचे म्हान चोल सम्राट, राजेंद्र चोल पयलो हांच्या जयंती उत्सवांत वांटो घेतले. मोदी गंगाई-कोंडा चोल-पुरम देवळांतल्या आदी तिरुवती-राय महोत्सवाकय हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच भारताचो एक व्हड सम्राट राजेंद्र चोल पयलो, हाच्या सन्मानार्थ प्रधानमंत्री एक यादस्तीक नाणें जारी करतले. हो खासा उत्सव राजेंद्र चोल प्रथम, हांच्या चोल स्थापत्यकलेचे उत्कृष्ट उदाहरण आशिल्ल्या, प्रतिष्ठित गंगाई-कोंडा चोलपुरम मंदिराच्या, बांधकामाच्या सुरुवातीचे स्मरण कराता. पयलो राजेंद्र चोल 1014 ते 1044 मेरेन, राज्य करतालो. भारताच्या इतिहासांतलो तो एक बळिश्ट राज्यकर्तो आशिल्लो. ताच्या फुडारपणाखाल चोल साम्राज्यान दक्षिण आनी आग्नेय आशियांत, आपलो प्रभाव वाडयलो. जैतिवंत मोहिमे उपरांत ताणें गंगाई-कोंडा चोलपुरम ही राजधानी, म्हूण स्थापन केली. पयल्या राजेंद्र चोल हाणें गंगाईकोंडा चोलपुरम हांगा बांदिल्लें, देवूळ

युनेस्कोच्या संवसारीक दायजाच्या वळेरेंत आसा. हे ताच्या गुंतागुंतीच्या शिल्पांखातीर, चोल कांस्य पुतळ्यांखातीर आणि प्राचीन शिलालेखां-खातीर प्रसिद्ध आसा.

## Maan Ki Baat

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 11 वरांचेर आकाशवाणी वेल्या 'मन की बात' कार्यावळीं वरवीं देश विदेशांतल्या लोकां कडेन संवाद सादतले. हो ह्या म्हयन्याळ्या रेडिओ कार्यावळीचो 124वो भाग आसतलो. आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या पुराय नेटवर्काचेर, AIR News वेबसायटीचेर आनी newsonair मोबायल ॲपाचेर हो कार्यक्रम प्रसारीत जातलो. तशेंच AIR News, डीडी न्यूज, पीएमओ आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले. हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडेंच आकाशवाणी प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत करतली.

## पीएम रेटिंग

अमेरिकेंतल्या डेटा विश्लेशण, मॉर्निंग कन्सल्ट ह्या कंपनीच्या, हालींच्या जागतीक सर्वेक्षणांतल्यान, 75 टक्के मान्यताय मेळोवन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी संवसारांतले सगळ्यांत लोकप्रिय लोकशाय फुडारी म्हणून उदेल्या. 4 ते 10 जुलय 2025 ह्या काळांत एकठांय केल्ली, भौशीक भावना दाखोवपी, ह्या सर्वेक्षणांतल्यान प्रधानमंत्री मोदी हे तांच्या हेर संवसारीक समकक्षां परस बरेच मुखार आसात, अशें दिसून येता. ताचे उपरांत, दक्षिण कोरियाचे राष्ट्राध्यक्ष ली जे-म्युंग हाणें 59% मान्यताय मेळयली. आर्जेन्टिनाचे राष्ट्राध्यक्ष जॅव्हियर मिलेई हाणें 57 टक्क्यांनी तिसरो क्रमांक मेळयलो. दरेका देशांतल्या वडील लोकसंख्येंच्या मतांचें मुल्यांकन करपा खातीर, ह्या सर्वेक्षणांत सात दिसांची रोलिंग सरासरी वापरल्या. मॉर्निंग कन्सल्टच्या, चालू आशिल्ल्या ग्लोबल लीडर ॲप्रूव्हल रेटिंग ट्रॅकरचो हो भाग आसा, जो नेमान वेगवेगळ्या लोकशाय फुडाऱ्यांची लोकप्रियता मेजता.

पीएम तामिळनाडू -

मालदीवांतल्यान परतून येतकच, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल रातीं तमिळनाडूंतल्या थूथु-कुडी हांगा ४,८०० कोटी रुपयांपरस चड किमतीच्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घाली, उक्तावण केले आनी राष्ट्राक समर्पित केले. ह्या प्रकल्पांक लागून प्रादेशिक जोडणी खूब वाडटली, निवळ उर्जा मुळावी बांदावळ घटमूट जातली, आनी पुराय तमिळनाडूंतल्या नागरिकांखातीर जिणेचो दर्जो सुदारतले. हे उपक्रम विमानतळ, म्हामार्ग, बंदरां, रेल्वेमार्ग, आनी वीज क्षेत्रांतली म्हत्वाची उदरगत, ह्या सारक्या मुखेल क्षेत्रांनी पातळ्ळयात. ह्या वेळार सभेक संबोधीत करतना, प्रधानमंत्र्यानी आपल्या विदेश भोंवडे वेळार, भारत आनी युके हांचेमदीं जाल्ल्या इतिहासीक मुक्त वेपार कराराचेर भर दिलो. मुक्त वेपार कराराक लागून भारताची अर्थवेवस्था घटमूट जातली आनी संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे दिकेन देशाचो प्रवास वेगान जातलो, अशें मोदी हांणी सांगलें.

एचएम शहा -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या खर संकल्पाक लागून आनी नागरिकांच्या आदारान, संवसारभर आतंकवादा आड, शून्य सहिश्णुतायेचो खर संदेश पावलो, अशें गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. नवी दिल्लींत आठव्या राष्ट्रीय सुरक्षा रणनिती परिशदेंत उलयतना तांणी सांगलें, कि भारताच्या वाढत्या प्रतिष्ठेक लागून, फुडल्या वर्सांनी राश्ट्रीय सुरक्षा आव्हानां वाडटलीं. फुडली 5-10 वर्सां देशाची उदरगत आनी सुरक्षे खातीर खूब म्हत्वाची थारतली, अशेंय मंत्री शाह हाणी सांगलें.

Goa Governor

गोंयचे नवे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी काल दोना पावला राजभवनाच्या नव्या दरबार हॉलांत आयोजीत सोपूतविधी सुवाळ्यांत पदाचो सोपूत घेतलो. मुंबय उच्च न्यायालयाचें मुखेल न्यायाधिश न्यायमूर्ती आलोक आराधे हांणी तांकां पदाचो सोपूत दिलो. सोपुतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री के. राममोहन नायडू, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय मंत्रीमंडळातले वांगडी, खासदार, आमदार आनी हेर मानेस्त हाजिर आशिल्लें.

पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी राजकीय मळार अनेक पदांचेर वावर केल्लो आसून 2014 ते मार्च 2018 मेरेन ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मंत्रीमंडळात केंद्रीय

नागरी उड्डान मंत्री आशिल्लें. गोंयचें आदले राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या जाग्यार पुसापती अशोक गजपती राजू हांची नियुक्ती जाल्या.
गोंयचो राज्यपाल जावपाची संद म्हाका मेळ्ळी म्हण हांव खोशी आसा,गोयच्या उदरगतीखातीर सरकार,प्रशासन आनी गोयकारां वांगडा काम करपाक म्हाका आवाडटले अशे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी ह्यावेळार म्हळें. (BYTE)
जाल्यार राज्यपालाचे राजनितीक मार्गदर्शन गोंय सरकाराक महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सोपुतविधी सुवाळो सोपल्या उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना म्हणला.

<u>माओवादी -</u>

छत्तीसगडांत काल बीजापूर जिल्ह्यांत, सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत चार माओवाध्यांक मरण आयला. सुरक्षा कर्मचाऱ्यांक थंयच्यान, सेल्फ लोडिंग रायफल सयत व्हड प्रमाणांत शस्त्रां मेळल्यात. जिल्ह्याच्या नैऋत्य वाठारांत माओवाद्यांच्या हाजिरे विशीं गुप्तचर म्हायती मेळ्ळया उपरांत, सुरक्षा दळांचो संयुक्त पंगड सोद कारवाय करपाक धाडलो. काल सांजे सावन सुरक्षा दळ आनी नक्सली लोकां मदीं फारपेट चालू आशिल्ली.

<u>CHESS</u>

फिडे बायलांच्या बुध्दिबळ विश्वचषकाच्या फायनलींत, कोनेरु हम्पी आनी दिव्या देशमुख हांचे मदली पयली मॅच, बरोबरीचेर सोंपली. जॉर्जियाच्या बातुमी शारांत जाल्ले हे सर्तींत, दिव्या धव्या आनी कोनेरु काळया मोहऱ्यांनी खेळ्ळे. बरोबरी उपरांत, दोनूय खेळगड्यांक दरेकीं अर्द गूण मेळ्ळे. फायनलीची दुसरी मॅच आयज जातली. ही निमाणी सर्त भारतांतल्या बायलांच्या बुध्दिबळ खेळा खातीर, एक व्हड सर्त आसा कारण, विजेतो आनी उपविजेतो अशे दोनूय खेळगडे भारतीय खेळगडे आसतले. ह्या मॅचींतल्यान फुडल्या वर्सा जावपी, फिडे बायलां कैंडिडेट्स सर्तींत वांटो घेवपाची संद मेळटली.

## क्रिकेट

क्रिकेटांत आयज, मॅनचेस्टरांतल्या ओल्ड ट्रॅफर्डांत जावपी अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीच्या, चवथ्या कसोटीच्या निमाण्या दिसा, यजमान इंग्लंडा आड, दोन विकेटी वगडावन 174 धांवड्यो करून, भारत आपलो दुसरो डाव सुरू करतलो. इंग्लंडान 311 धांवड्यांची व्हडली आघाडी घेतल्या. काल शुबमन गिल 78 आनी के एल राहुल 87 धावडयो कडून अपराजित आशिल्ल्यान, भारताक आशेची झलक आसा. चवथ्या दिसा, भारत अजूनय 137 धांवड्यांनी फाटीं आसा.

## IMD

हवामान खात्यान अस्तंत मध्य प्रदेश, उदेंत राजस्थान आनी गुजरातांत आयज मुसळधार पावसाचो रेड अलर्ट जारी केला. फुडले 3 दीस मध्य भारत, अस्तंत दर्यादिगेवेल्या वाठारांनी आनी लागसारच्या वाठारांनी मॉन्सून सक्रीय उरपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां. उत्तराखंड, उदेंत मध्य प्रदेश, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयाच्या दोंगराळ वाठारांनी आयज खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच आयज सौराष्ट्र, कच्छ, कोंकण, गोंय, मोठ्या प्रमाणात मध्य महाराष्ट्र आनी दर्यादिगेवेल्या कर्नाटकांत खूब पावस पडपाची शक्यताय आसा.